**पणजे ताग उत्पादनाचें विक्री प्रदर्शन**

ता. 13 ऑक्टोबर 2023

भारत सरकारच्या लुगट मंत्रालयाच्या राष्ट्रीय ताग (ज्युट) मंडळान पणजे डॉन बॉस्को ऑरेटरी सभाघरात तागाच्या (ज्युट) धाग्यापासून तयार केल्ल्या उत्पादनांचे विक्री-प्रदर्शन आयोजीत केला. हे विक्री-प्रदर्शन 16 ऑक्टोबर मेरेन उकतें आसतले. विक्री-प्रदर्शनात पश्चिम बंगाल, उत्तर प्रदेश, कर्नाटक, तलंगण आनी देशाच्या हेर राज्यांतल्या सुक्ष्म ताग उत्पादन उद्देजकांनी आपली उत्पादनां मांडल्यात. तागाच्या धाग्यापासून तयार केल्ल्यो हस्तकला वस्तू, खेळणीं, बॅग्स, भेटवस्तू, व्हॉल हॅगिंग, ताग लुगटा उत्पादनां आनी हेर ताग उत्पादनां विकपाक उपलब्ध आसात.

“गोल्डन फायबर” म्हूण वळखुपात येवपी तागाचो धागो पर्यावरण पुरक आनी बेगीन कुसपी आसून तागाच्या उत्पादनाक प्रोत्साहन दिवपा खातीर मंडळावतीन विवीध उपक्रम आयोजीत करपात येतात. तागाची उत्पादनां प्लास्टिकाक योग्य पर्याय आसून लोकांनी तागाच्या उत्पादनांचो वापर करून पर्यावरणाचो सांबाळ आनी समतोल राखपाक मजत करपाची गरज आसा.

डॉन बॉस्को ऑरेटरीचे संचालक जेम्स मार्कुस, राष्ट्रीय ताग मंडळाचे मार्केटिंग प्रमुख टी. अय्यपन, मंडळाचे सहाय्यक संचालक डी. मुखर्जी हांणी काल प्रदर्शनाक भेट दिली.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/798

--

-----------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.